गोंय विद्यापीठाच्या पद्व्युत्तर आनी बी.एड. अभ्यासक्रम प्रवेशा खातीर प्रवेश रॅंकिंग परिक्षा

ता. 5 फेब्रुवारी 2026

गोंय विद्यापीठान विद्यापीठाच्या कॅम्पसात आनी विद्यापीठाकडेन सलग्न आशिल्ल्या म्हाविद्यालयांनी शिकोवपात येवपी पद्व्युत्तर (पीजी) आनी बी.एड. अभ्यासक्रम शालेय वर्स 2026-27 प्रवेशा खातीर गोंय विद्यापीठ प्रवेश रॅंकिंग परिक्षा (जीयु-एआरटी) 2026-27 जाहीर केल्या. गोंय विद्यापीठाच्या समर्थ प्रवेश पोर्टला वरवीं 4 ते 18 फेब्रुवारी 2026 मेरेन ऑनलायन अर्ज स्विकारतले.

जीयु-एआरटी फेरी-1- 7 मार्च, 8 मार्च, 14 मार्च, 15 मार्च आनी 22 मार्च 2026 दिसा घेतली. जाल्यार शिक्षण शाखा बदलाची परिक्षा 25 आनी 26 फेब्रुवारी 2026 दिसा घेतले. पीजी आनी बी.एड. अभ्यासक्रम प्रवेश जीयु-एआरटी परिक्षेच्या आदाराचेर आसतलो.

निमणे वर्साचे अंडरग्रॅज्युएट विद्यार्थींय अर्ज करपाक पात्र आसात आनी पात्रताय पुर्ण करपाच्या अटीचेर तात्पुरतो प्रवेश दितले. इत्सुक उमेदवारांनी https://unigoaadmission.samarth.edu.in/2026 ह्या पोर्टलाचेर भेट दिवन 18 फेब्रुवारी 2026 , सांजेच्या 5.00 वरा मेरेन अर्ज करपाक जाय. अर्ज भरपाक कसलीय अडचण आसल्यार https://forms.gle/GPV6XDhDA9btY4wj6 चेर भेट दिवन कळोवचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/103

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.